Panaji national news

29.03.2025,,6.30pm

**राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू**

सगळ्यांच्या जागृताय आनी सामुहीक यत्नांचेर आदारिल्ल्या सतत कार्य कर्तृत्वांतल्यानच पर्यावरण संरक्षण आनी ताचो प्रसार शक्य जातलो अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलां. नवी दिल्लींतल्या विज्ञान भवनांत पर्यावरणाचेर राष्ट्रीय परिशद -2025 उक्तावण करतना राष्ट्रपती . दोन दिसांची ही कार्यावळ राष्ट्रीय पाचवी न्यायालयान घडोवन हाडल्या. येवपी पिळग्यांक नितळ वातावरणाचो दायज दिवप ही आमची नैतीक जापसालदारकी अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलें. पर्यावरणाचे संवर्धन करपा खातीर पर्यावरण जागृत आनी संवेदनशील जिवीत पद्दत आपणावपा खातीर तिणें भर दिलो. निवळ वातावरण आनी आधुनीक उदरगत हांचे मदीं समतोल दवरप ही संद आनी आव्हान अशें राष्ट्रपती हांणी सांगलें. भारत कमी कार्बन तंत्रगिन्यानांत नवनिर्माण वाडोवपाचेर लक्ष केंद्रीत करता आनी विकसनशील राश्ट्रा खातीर हवामान बदला आड नेटान जावपी पर्यावरणीय अर्थीक वाड ही सगळ्यांत बरी राखण आसा अशें ह्या वेळार उलयतना केंद्रीय पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव हांणी सांगलें,., भारत हो संवसारांतलो तिसरो व्हडलो उर्जा उत्पादक देश आनी 2030 मेरेन 500 गीगा वॅट नवीकरणीय उर्जा क्षमताय थारायल्या तांणी सांगलें.

**भूंयकांपा**

भूंयकांपा उपरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्यानमाराच्या वरिश्ठ जनरल मिन आंग ह्लांग हांचे कडेन फोनाचेर उलयले. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री

मोदी हांणी ह्या संकश्टां दुख्ख उक्तायलां अशें सांगलां. एक लागींचो इश्ट आनी शेजारी म्हूण भारत ह्या कठीण वेळार म्यानमारच्या लोकां कडेन एकचारान उबो रावता अशें तांणी पुष्टी केली

भूंयकांप जाल्ल्या म्यानमार खातीर केल्ल्या ऑपरेशन ब्रह्मा ह्या आदार कार्यावळीचो एक भाग म्हूण भारतान आनीक दोन भारतीय वायुसेनेचीं विमानां रिलीफ मटेरियल घेवन धाडपाचें आसा. परराश्ट्र मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण हीं विमानां बेगीनूच हिंडन हवाई दळ केंद्रा वयल्यान सुटतलीं. भारतीय वायुसेनेचें सी-130जे विमान, 15 टन तातडीच्या मानवतावादी मजतीचो पयलो टप्पो घेवन आयज सकाळीं पयलींच यांगोनांत देंवलां. काल दनपारां म्यानमार आनी थायलंडांत  भूंयकांप आयिल्ल्यान म्यानमाराक आदार दिवपा खातीर भारतान ऑपरेशन ब्रह्म सुरू केलां. ह्या रिलीफ पॅकेजींत तंबू, कंबला, न्हिदेचीं पोतीं, अन्न पॅकेट, नितळसाण किट, जनरेटर, रांदचे कुडींतले सेट अशीं गरजेचीं पुरवणां आसपावीत आसात. ते भायर पॅरासिटामोल, प्रतिजैव वखदां, सिरिंज, मोजां, पट्टी सयत म्हत्वाची वैजकी पुरवण धाडून आपत्ती बळी पडपी लोकांक आदार दितात. भारतांतल्यान मजत आनी मदत पुरवण बेगीन पावोवपा खातीर म्यानमारांतलें भारतीय दूतावास थळाव्या अधिकाऱ्यां कडेन सक्रीयपणान समन्वय करता.

**गृहमंत्री**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या फुडारपणा खाला सरकारान 31 मार्च 2026 पयलीं नक्सलवाद ना करपाचो संकल्प केला अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा सांगलें

चत्तीसगडांतल्या सुकमा जिल्हयांत सुरक्षा एजन्सीनी 17 नक्सली लोकांक निश्क्रीय केल्यात . शेनवारा सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री शाहान नक्सलवादाचेर आनीक एक हल्ल्यांत शस्त्रांचो व्हडलो सांठो मेळ्ळा असो उल्लेख केला. शस्त्रां घेवन वचपी लोकांक आवाहन करतना श्री शाहान सांगलें की शस्त्रां आनी

हिंसाचार बदल घडोवन हाडूंक शकना; फकत शांतताय आनी उदरगत जावंक शकता.

**‘मन की बात’**

आयतारा सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी ‘मन की बात’ कार्यावळींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी देशांतल्या आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार सांगतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 120वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, एअर न्यूज संकेतथळार, न्यूजऑनएअर मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ, आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचो लायव्ह प्रसारण जातलो. आकाशवाणी हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडोच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

**आयपीएल**

आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर गुजरात टायटन्स आनी मुंबय इंडियन्स हांचे मदीं झगडीं जातली. मॅच 7:30 वरांचेर सुरू जातली ही आयपीएल क्रिकेटांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून काल रातीं चेन्नयच्या एमए चिदंबरम स्टेडियमांत चेन्नय सुपर किंग्साक 50 धांवड्यांनी हारयली.सांजवेळा.